प्रादेशिक खबरो

२८-०७-२०२५ सकाळी : ७.२५

गोंयची राजधानी पणजी शाराक स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी राश्ट्रपती पुरस्कार फावो जाल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज "मन की बात" ह्या कार्यावळीवरवी गोंयचे अभिनंदन केला. पणजे शारात कोयराचे 16 प्रकारत विभागणी करुन ताचो रितसर विल्हो लायतात, महत्वाचे म्हणल्यार पणजेच्या कोयर प्रकल्पात हे काम बायलां करतात अशे म्हणीत प्रधानमंत्री नरेंद मोद हांणी ह्या बायलांची तुस्त केला.

आयच्या "मन की बात" च्या कार्यावळीत पणजीच्या स्वच्छतेच्या यत्नांची तोखणाय केल्ल्या खातीर मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी मानादीक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीजी हांचे उपकार मानल्यात. कोयर वेवस्थापनांत फुडाकार घेवपी अविश्वसनीय बायलांक तांणी परबीं दिल्या. तांच्या समर्पणाक लागून पणजी शाराच्या नितळसाण मळार बदल जालाच पूण शाराक प्रतिश्ठीत स्वच्छ सर्वेक्षण राष्ट्रपती पुरस्कार मेळ्ळा. ही मान्यताय आमकां नितळ, पाचवी, आनी ति गोंयाचे दिकेन वावर चालू दवरपाची प्रेरणा दिता अशी प्रतीक्रीया मुखूलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयच्या" मन की बात" ह्या कार्यावळी उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी गोंयचो उल्लेख कूल्या उपरांत दीला.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मार्गदर्शनाखाला देशभर सुरू जाल्ले स्वच्छ भारत उपक्रम हो एक महत्वाचो उपक्रम अशे गोंयचे नगर नियोजन खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी गोंयची राजधानी पणजी शाराक पुरस्कार मेळिल्ल्या बद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मन की बात वरवी गोंयाक परबी दील्ल्याबद्दल मंत्री विश्वजीत राणे हांणी खोस उक्तायला.ह्यानफुडे लेगीत गोयांक नितळ दवरपाची मोहीम तीतक्याच नेटान सुरू उरतली अशे तांणी म्हळा.

पणजे शाराक नितळ दवरप हे तशे व्हड आव्हानुच आशील्ले ,मात म्हापालीकेच्या स्वच्छतेच्या कामात शिस्त हाडुन पणजेक स्वच्छ शार करपाक पणजी म्हापालीकाक येस आयले,म्हापालीकेच्या स्वच्छता कामगारांनी केल्ली कामा लेगित तुस्त करपासारखी आसा अशें पणजी शार म्हापालीकेचे महापौर रोहीत मोन्सेरात हांणी ह्यावेळार म्हणला.

हवामान -

हवामान खात्यान 27 ते 29 जुलय मेरेन मध्यम स्वरुपाच्या पावसाची शक्यताय उक्तायल्या. ते प्रमाण ह्या तीन दिसां खातीर पावसाचो यलो अलर्ट जारी केला. जाल्यार 30, 31 जुलय आनी 1 ऑगस्यक तुरळक पावसाची शक्यताय आशिल्ल्यान कसलोच अलर्ट दिवंक ना. गोंयांत फुडले पांच दीस चड चड तापमान 29 ते 30 अंश जाल्य उण्यांत उणें तापमान 25 अ सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यता हवामान खात्यान उक्तायल्या.

मॅनचेस्टर ओल्ड ट्रॅफर्डात भारत आनी इंग्लड पंगडामदी जाल्ल्या **एंडरसन - तेंदुलकर ट्रॉफीतलो** चौथो कस लावपी क्रिकेट खेळ बादाबाद दवरपाक भारताक येस आयले. काल पाचव्या दिसा, भारतान दुसऱ्या डावात बेसबरो खेळ करुन चार बाद ४२५ धावंड्यो केल्यो. भारताचो कर्णधार शुभमन गिलान शेकडो मारताना १०३, केएल राहुलान ९०, तशेच रवींद्र जडेजा- नाबाद १०७ आनी वॉशिंग्टन सुंदरान नाबाद १०१ धावंड्यांचे योगदान दिले. इंग्लंडच्या बेन स्टोक्साक मॅन ऑफ द मॅच म्हूण घोषित केले. इंग्लंडान ह्या खेळामाळेत २-१ अशी आघाडी घेतल्या. निमणो कस लावपी क्रिकेट खेळ ३१ जुलैसावन ओव्हलात जातलो.